# अनधिकृत द्रोणाचो सोद लावपी यंत्रणेची यशस्वी चाचणी

ता. 7 जानेवारी 2019
17 पौष 1940

गोंयात भरपूर गर्दी जावपी कार्यक्रम तशेंच गोंयच्या दर्या वाठारांत जावपी संगीत-नृत्य कार्यक्रमा वेळार अनधिकृत द्रोणाचो वापर वाडला आनी असो वापर लोकांच्या सुरक्षेक आनी खाजगी जीणेक धोक्याचो आसा. गोंय पुलीस खात्यान अशा अनधिकृत द्रोण वापराचेर नियंत्रण दवरपाखातीर अनधिकृत द्रोण आनी ताचो वापर जावपी थळांचो सोद घेवपी यंत्रणेची यशस्वी चाचणी केली. अशा सोद यंत्रणावरवीं मेळयिल्लो डाटा फुडलें चवकशी खातीर उपेगात येतलो. लोकांची सुरक्षा आनी म्हत्वाच्या उत्सवा वेळार खाजगी जीणेच्या सुरक्षेखातीर गोंय पुलीस द्रोणाचो सोद घेवपी यंत्रणेचो योग्य उपेग करतात.

पुलीस अधिक्षक श्री. कार्तिक कश्यप हांच्या देखरेखीखाला एटीएस अधिका-यानी बागा वाठारात हया यंत्रणेचो वापर सुरू केला. हया यंत्रणेवरवीं पाच किलोमीटर मेरेनच्या वाठाराचेर देखरेख दवरपाक मेळटा. लोकांक सूचोवणी दिवन सावध करप, अतिमहनीय व्यक्तीक सुरक्षे संदर्भात म्हायती दिवप, कार्निव्हल सारख्या मिरवणुकी वेळार लोकांक सादूर करपाची म्हायती दिवपाची सुविधा हया यंत्रणेत आसा.

गर्दीच्या थळार कसल्याय वायट घडणुकेचो दुबाव आसल्यार योग्य खबरदारी घेवप तशेंच येरादारीचेरय नियंत्रण दवरप हया यंत्रणेवरवी शक्य आसा.

हया यंत्रणेक लागून अनधिकृत आनी असुरक्षित द्रोण वापराचेर नियंत्रण येतले आनी खास करून लोकांक आनी पर्यटकांक सुरक्षा मेळटली.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2019/15